\\ .

**गोवा कोंकणी अकादेमी**
**पणजी – गोंय.**
**येवजणेचे नांव :- लेखक विद्यार्थ्यांचे भेटेक**

*** येवजणेचें वर्स :-** ------------------------------------------

*** येवजणेचो उद्देश :-** कोंकणी विशय शिकपी भुरग्यांक ताच्या पाठ्य पुस्तकांतल्या लेखकांची वळख करून घेवपाची आनी तांचेकडेन सुसंवाद सादपाची संद उपलब्ध करून दिवप.

*** येवजणेचें नेम :-**

(1) कोंकणी विशय शिकपी भुरग्यांक ताच्या पाठ्य पुस्तकांतल्या लेखकांची वळख करून घेवपाची आनी तांचेकडेन सुसंवाद सादपाची संद उपलब्ध करून दिवप.

(2) अकादेमीचे मान्यताये शिक्षण संस्थेन लेखक थारावचो पडटलो.

(3) लेखकान पाठ्य पुस्तकाच्या धड्याविशीं आनी आपल्या लिखणाविशीं विद्यार्थ्यांक विस्तारान सांगप आनी विद्यार्थ्यांनी हे विशीं लेखकांकडेन भासाभास करप.

(4) पाठ्य पुस्तकांतल्या एक वा दोन लेखकांकच हे येवजणेखाला आमंत्रीत करूं येता. कार्यावळ कमीत ती दोन वरांची आसूंक जाय.

(5) कार्यावळीक सभाघर, आवाज येवजण आनी कदेलां हाची पुराय वेवस्था आनी खर्च आयोजक संस्थेन करचो पडटलो.

(6) जे संस्थेक हे येवजणेचो लाव घेवपाचो आसा तांणी लेखकाचें/लेखकांचीं नांवां दिवन थळ आनी खर्चाचो तपशिल दिवन अकादेमीकडेन विहीत नमुन्यात अर्ज करचो पडटलो.

(7) आयिल्ल्या अर्जांची छाननी करून योग्य संसथेचो अर्ज स्विकारतली आनी संस्थेक कार्यावळ करपाक लिखीत मान्यताय दितली.

(8) लेखक/लेखकांचें मानधन आनी प्रवास खर्च, बॅनर, फुलां, फोटोग्राफर, विद्यार्थ्यांखातीर च्या खावपाक आदिंचो खर्च अकादेमी दितली. आनी हे खातीर चडांत चड रु. 10, 000/- मेरेन खर्च फारीक करतली. ( खर्चाची नेमावळ वेगळी जोडल्यात. )

(9) वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो अधिकार अकादेमीन राखून दवरतां.

<u>लेखक विद्‌यार्थ्यांचे भेटेक खर्चाचो तपशिल :</u>

**100 जाणांखातीर चडान चड खर्च रु. 10,000/-**

1) **कार्यावळीचो वेळ** : - कमीत कमी देड वर वा चडात चड 2.00 वरां

2) **थळ** :- आयोजक संस्था थारायता ते प्रमाण ( 100 लोकांचें हॉल, आवाज येवजण आनी कदेलां हाची पुराय वेवस्था आनी खर्च आयोजक संस्थेचो. )

3) **खर्चाची नेमावळ :**

   1) लेखक मानधन + प्रवास खर्च एकवटीत रु. 1500/-

   2) च्या/खावपाक 100 विद्‌यार्थ्यांखातीर रु. 50/- प्रमाण 5,000/-

   3) बॅनर रु. 1000/-

   4) फोटोग्राफर रु. 1000/-

   5) हेर खर्च रु. 1500/- (उदकां बाटल्यो, फुलां, साफ सफाई बी धरुन )

**अर्जी** :- जे संस्थेक हे येवजणेचो लाव घेवपाचो आसा तांणी लेखकाचें नांव दिवन स्थळ आनी कोंकणी शिकपी भुरग्यांचो तपशिल दिवचो.

**मान्यताय** :- अकादेमीन आयिल्ल्या अर्जाची छाननी करुन योग्य संस्थेचो अर्ज स्विकारातली आनी संस्थेक कार्यावळ करपाक लिखीत मान्यताय दितली. मान्यताय मेळ्ळया उपरांत संस्थेन अकादेमीच्या सहकार्यान कार्यवळ आयोजीत करची.

*******